## नामनेच्या गोंयकारांकडल्यान नामांकनां मागयल्यात

## राष्ट्रीय संसद परिशदेत नामनेच्या गोंयकारांचो सत्कार जातलो

ता. 28 ऑक्टोबर 2021

सरकारान गोंयांत डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोअर स्टेडियमात ता. 08 ते 12 नोव्हेंबर 2021 ह्या काळात जावपी राष्ट्रीय संसद परिशदेच्या समारोप कार्यक्रमात सकयल नमुद केल्ल्या संबंदीत मळार व्हड योगदान दिल्ल्या दोन नामनेच्या गोंयकारांचो सत्कार करपाचो निर्णय घेतला.

सर्वसामान्य लोकांनी आपली नामांकनां आपल्या योगदानाविशीं शंभर उतरांत म्हायती/प्रमाणपत्रा सयत ता. 31 ऑक्टोबर 2021 मेरेन ईमेल: dir-dip.goa@gov.in चेर धाडची.

राष्ट्रीय संसद परिशदेत 8 आनी 9 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय बायलां संसद, 10 आनी 11 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय युवा संसद आनी 12 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पंचायत संसद सत्र जातले. राष्ट्रीय बायलां संसद सत्रात बायलांच्या सक्षमीकरणातली सामाजीक-राजकीय आव्हानां, बायलांची परिस्थिती आनी निर्णय घेवपाची तांक, कॉर्पोरेट संकेतानी आनी तत्वांनी बायलो, बायलांखातीर नवीन क्षेत्रां, राजकारणात बायलो, राखीवता, कार्य आनी फुडार आनी बचत गट- हेतू, वास्तव, फुडाराखातीर रोडमॅप अशां विशयांचो आस्पाव आसा. राष्ट्रीय युवा संसदेत लोकशायेत युवा संसद, सामाजीक कार्याखातीर सोशल नेटवर्किंग, राजकीय नेतृत्व – युवा भारताक कित्ये जाय?, संस्कृती आनी संविधाना वरवीं राष्ट्रीय एकात्मता आनी नवीन जग, नवीन शिक्षण अशां विशयांचो आस्पाव आसा आनी राष्ट्रीय पंचायत संसदेत आदर्श गांव, नेतृत्व आनी सहभाग, आत्मनिर्भर/स्वयंपूर्ण पंचायत, ग्रामीण अर्थवेवस्था: शेती, खण वेवसाय, पर्यटन अशां विशयांचो आस्पाव आसा

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/896

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji